## कदंब येरादारी म्हामंडळा वतीन बंगळुरू, शिर्डी, हैदराबाद, मुंबय, धर्मस्थळ आनी हम्पी बस सेवा

ता. 18 एप्रिल 2025

कदंब येरादारी म्हामंडळान बंगळुरू, शिर्डी, हौदराबाद, मुंबय, धर्मस्थळ आनी हम्पी मार्गार दिसपट्टी नवीन एअर कंडिशन आनी आरामदायी आंतरराज्य बस सेवा सुरू केल्या. म्हापशें ते बंगळुरू एसी स्लिपर बस म्हापशेंच्यान सांजेच्या 5.30 वरांचेर सुटून पणजी, मडगांव, फोंडा, अनमोड, धारवाड, हुबळीच्यान बंगळुरू पावतली आनी दुसऱ्या दिसा परती बंगळुरू सावन 7.45 वराचेर सुट्टली.

मडगांव ते पुणे-शिर्डी एसी स्लिपर बस मडगांवच्यान सांजेच्या 5.00 वराचेर सुटून पणजी, म्हापशें, बांदा, पुणेच्यान शिर्डी पावतली . गोवा-हैदराबाद एसी स्लिपर बस मडगांवच्यान सांजेच्या 4.00 वराचेर सुटून पणजी, म्हापशें, साखळी, बेळगाव, विजयपूरा, कलबुर्गीच्या हैदराबाद पावतली.

तशेंच म्हामंडळा वतीन गोंय- मुंबय, धर्मस्थळ आनी हम्पी मार्गार बस सेवा सुरू करपात येतली. चड म्हायती आनी ऑफलायन तिकेट बुकिंगे खातीर म्हामंडळाच्या **www.goakadamba.com or www.redbus.in** ह्या वेबसायटीचेर भेट दिवची. तशेंच म्हामंडळाच्या लागीच्या कार्यालयांत भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/367

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.